Panaji Regional 25th January 2025 7.25am

**PRESIDENT ADDRESS-R-DAY - 60**

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज प्रजासत्ताक दिसाच्या पूर्वसांजेर राष्ट्राक संबोधीत करतल्यो. हें संबोधन सांजवेळा 7 वरांचेर आकाशवाणीच्या पुराय राष्ट्रीय नेटवर्काचेर आनी दूरदर्शनच्या सगळ्या चॅनलांचेर हिंदीतल्यान आनी उपरांत इंग्लीश भाशेंतल्यान प्रसारीत जातलें. दूरदर्शनाचेर हिंदी आनी इंग्लीशींतल्यान संबोधन प्रसारीत जाले उपरांत दूरदर्शनाच्या प्रादेशिक चॅनलांचेर प्रादेशिक भाशांनी हाजे प्रसारण जातलें. आकाशवाणी रातच्या 9.30 वरांचेर आपल्या प्रादेशिक नेटवर्काचेर प्रादेशिक भाशांनी हाजे प्रसारण करतली.

---

**NATIONAL VOTERS' DAY - 65**

आयज देशभरांत पंदरावो राष्ट्रीय मतदार दीस मनयतात. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू नवी दिल्लींत जावपा आशिल्ल्या मुखेल कार्यावळीक हजर रावतल्यो. केंद्रीय कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांचे वांगडा मुखेल वेंचणूक आयुक्त आनी वेंचणूक आयुक्त हेय कार्यावळीक हाजीर आसतले. तशेंच ह्या कार्यावळीक वेंचणूक वेवस्थापन संस्थांचे मुखेली आनी प्रतिनिधी हाजीर आसतले, तांणी काल सोपिल्ल्या दोन दिसांच्या परिशदेंत जगभरात वेंचणूक वेवस्थापनांत येवपी मुखेल मुद्द्यांचेर चर्चा केली.

Tillari CM – 155

महाराष्ट्राचे हद्दींतल्या तिळारी कानालाची दुरुस्ती करपा संबंदात बेगीनूच महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांकां मेळटले अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. शुक्रारा तांणी तिळारी कानाल, साळ बंदारो, आमठाणें धरण

संबंदी चालू आशिल्ल्या वेगवेगळ्या उदरगतीच्या कामांचो नियाळ घेतलो. ह्या वेळार उदका पुरवण खात्याचे मंत्री सुभाष शिरोडकार, आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये, मुखेल अभियंतो प्रमोद बदामी आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

महाराष्ट्राचे हद्दींतलो सुमार 30 किमी लांबायेचो तिळारी कानाल परतून परतून इबाडटा. हाचो परिणाम गोंयच्या उदका पुरवणाचेर जावपाक लागला. ह्या कानालाची दुरुस्ती करपाची गरज आसा. हे खातीर आमच्या उदका पुरवण खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी महाराष्ट्रांतल्या अधिकाऱ्यां कडेन चर्चा सुरू केल्या. हाचे उपरांत आपूण आनी मंत्री सुभाष शिरोडकार आनी हेर अधिकारी महाराष्ट्राच्या मुखेलमंत्र्यांक मेळटले. ह्या वेळार तिळारी संबंदी संयुक्त बसका घेवपाचेरूय आमी चर्चा करतले अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

गोंयचे शिमे भितरल्या 28 किमीच्या तिळारी कानालाचे दुरुस्तीचें काम चालू आसा. 128 कोटी रुपया मंजूर केल्यात. पांच वर्सां खातीर कानालाची देखरेख आनी दुरुस्तीची जापसालदारकी कंत्राटदाराची आसा, अशे मुखेलमंत्री, डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले.

Cyber Security – 90

' सायबर सुरक्षीत गोंय ' ह्या कार्यावळीखाला सगळ्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी २६ जानेवारीक दिसा प्रजासत्ताक दिसाच्या कार्यावळी वांगडाच 'सायबर सुरक्षे ' विशींचे व्हिडीयो विद्यार्थ्यांक दाखोवंचे अशें गोंय पुलीसांनी मांगलां. 'सायबर सुरक्षीत गोंय मोहिमेखाला गोंय पुलीसांनी सगळ्यांक समजूपी कोंकणी भाषेत सायबर सुरक्षेविशी व्हिडीयो तयार केल्यात. हे व्हिडीयो विद्यार्थांमदी पावले जाल्यार ते आपसूकूच तांच्या आवय - बापाय कडे तें पावतले आनी

सायबर सुरक्षेचे शिक्षण सगळ्यांक मेळटले अशें गोंय पुलीसांनी म्हळां. राज्य शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेन ह्या विशीं सगळ्या शाळांक कळीत करून सायबर गुन्यांव विभागाच्या पुलीस अधिक्षकांनी धाडील्ले जागृताय व्हिडीयो विद्यार्थ्यामेरेन पावोवंचे अशें मांगलां.

DIP – 60

संरक्षण मंत्रालयान प्रजासत्ताक दीस सुवाळो -2025 निमतान राष्ट्रीय रंगशाळा शिबीर, कॅन्ट दिल्ली हांगा आयोजीत सांस्कृतीक कार्यक्रमात गोंयच्या सांस्कृतीक पंगडाक पयले इनाम फावो जाले. गोंयचो सांस्कृतीक पंगड गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे प्रतिनिधीत्व करता. सांस्कृतीक कार्यक्रमात 15 राज्यां आनी 6 मंत्रालयांनी वाटो घेतला.

गोंयच्या सांस्कृतीक पंगडान पारंपरीक दिवली नाच सादर केलो. परिक्षक आनी प्रेक्षकांनी गोंयच्या पंगडाची तोखणाय केली.

Raj Bhavan – 65

भारतीय प्रजासत्ताक दिसानिमतान 26 जानेवारी 2025 दिसा राजभवन इमारतीचो दर्शनी भाग, कुशीची इमारत आनी उद्यानात रोशणाय करपात येतली. ही रोशणाय पळोवपाक लोकांक 26 जानेवारी  दिसा सांजेची 7.15 ते रातची 9.00 मेरेन राजभवन उद्यानात  प्रवेश दितले.

फोटो वळखपत्र दाखयल्या उपरांत लोकांक मुखेल प्रवेश गेटीतल्यान प्रवेश दितले.लोकांक इमारतीत वा कार्यालयांत प्रवेश आसचो ना. तशेंच सुरक्षेच्या कारणांक लागून नागरिकांनी हॅण्डबॅग, ब्रिफकेस, कॅमेरा, शस्त्रां, आदी वांगडा हाडची न्हय.